Panaji National
4th September 2026 8.40am

- ISROन आज सकाळी श्रीहरिकोटा सावन 'EOS-05' या पृथ्वी निरीक्षण उपगीऱ्यांचे यशस्वी प्रक्षेपण केले.

- सरकारान परदेशी योगदान (नियमन) दुरुस्ती विधेयक, 2026 हाचेर विचार करपाखातीर संसदेच्या 31 सदस्यांची संयुक्त समिती स्थापन केली.

- सर्वोच्च न्यायालय आयज सावन नवी दिल्लींत BRICS सरन्यायाधीश मंचा'चे आयोजन करतलें.

- श्रीकृष्णाच्या जन्मोत्सवाचो सण जन्माष्टम आज देशभरात भक्तीभावान आनी उत्साहान मनयतात.

- बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं दुबयंत टी-20 आशिया कपाच्या अ गटांतल्या आपल्या दुसऱ्या मॅचींत भारतान हांग्कांगाक 137 धांवड्यांनी हारोवन उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो.

ISRO – 70
भारतान अंतराळ क्षेत्रात आनीक एक मोठे यश मेळयलां. भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था (इस्रो) आज सकाळी श्रीहरिकोटा सावन GSLV-F17 रॉकेटा वरवीं 'EOS-05' या पृथ्वी निरीक्षण उपगीऱ्यांचे यशस्वी प्रक्षेपण केले. इस्रो प्रमाण, उड्डाणा उपरांत सुमार १८ मिनिटांनी हो उपगीरो 'जिओसिंक्रोनस ऑर्बिटात यशस्वीपनाण स्थापित केलो. EOS-05 वरवीं रिअल-टाइम प्रतिमा उपलब्ध जातल्यो, जाका लागून शेती आणि आपत्ती व्यवस्थापन यांसारख्या क्षेत्रांक मदत जातली. या मोहिमेक लागून भारताची पृथ्वी निरीक्षणाची क्षमता आनीक घटमुट जातली, असे इस्रोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले.

India Belgium – 90
भारत आणि बेल्जियम हाणी वेपार, गुंतवणूक आणि आर्थिक सहकार्य आनीक घठमुठ करपा बाबतची आपली कटिबद्धता परत एकदा अधोरेखित केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी बेल्जियमाचे प्रधानमंत्री बार्ट डी विवर हांचे मदीं जाल्ले चर्चे उपरांत जारी केल्ल्या संयुक्त निवेदनांत दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय वेपाराच्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान वाडत्या सहभागाचे स्वागत केले. फुडल्या पांच वर्सांत द्विपक्षीय वेपार दुप्पट करपाचें महत्वाकांक्षी ध्येय दोनूय देशांनी थारायलां. ह्या आव्हानात्मक वातावरणांत लेगीत भारताच्या अर्थव्यवस्थेन आपली गती तिगोवन दवरल्या हाजेर प्रधानमंत्री मोदी हाणी आपल्या निवेदनांत भर दिलो.

बेल्जियमाच्या प्रधानमंत्र्यांनी भारत एक म्हत्वाचो भागीदार देश अशें म्हळां.
MEA – 50
भारतान ब्रुसेल्सांत डिफेन्स अटेशे नेमपाचो निर्णय घेतला. बेल्जियमान ह्या वर्साचे सुरवेक नवी दिल्लींत डिफेन्स अटेशेची नियुक्ती केल्ली.परराष्ट्र मंत्रालयांतले पश्चिम वेव्हाराचे सचिव सिबी जॉर्ज हांणी नवी दिल्लीत मीडियाक ही म्हायती दिली. फरार व्यापारी मेहुल चोक्सी हाच्या प्रत्यार्पणाविशीं जॉर्ज हांणी सांगलें, ताका फाटल्या वर्साच्या एप्रिलांत बेल्जियमच्या अधिकाऱ्यांनी अटक केलति आनी तेन्ना सावन तो बेल्जियमांतल्या तुरुंगांत आसा.

Rajnath Singh – 40

भारत आनी बेल्जियम हांचे मदीं परस्पर आदर आनी लोकशाय मुल्यांचेर आदारिल्ले लागींचे आनी दीर्घकालीन संबंद आसात अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान सांगलां. नवी दिल्लींत बेल्जियमाचे संरक्षण मंत्री तेयो फ्रांकन हांचे वांगडा शिष्टमंडळ पावड्या वेल्या चर्चे वेळार सिंग उलयताले. Byte 33

FCRA – 60

सरकारान परदेशी योगदान (नियमन) दुरुस्ती विधेयक, 2026 हाचेर विचार करपाखातीर संसदेच्या 31 सदस्यांची संयुक्त समिती स्थापन केली. लोकसभा खासदार संजय जायसवाल ह्या संयुक्त समितीचे अध्यक्ष आसतले. समितीत लोकसभेंतल्यान भर्तृहरी महताब, तेजस्वी सूर्या, निशिकांत दुबे, ए. राजा आनी सुप्रिया सुळे हांचो आस्पाव आसा. राज्यसभेंतल्यान हर्षवर्धन श्रृंगला, संजय कुमार झा, प्रफुल्ल पटेल आनी मेनका गुरुस्वामी हांचो हे समितींत आस्पाव केला.

BRICS- CHIEF JUSTICE FORUM - 120

सर्वोच्च न्यायालय आयज सावन नवी दिल्लींत BRICS सरन्यायाधीश मंचा'चे आयोजन करतलें. ह्या मंचांत BRICS सदस्य देश आनी भागीदार देशांचे सरन्यायाधीश, सर्वोच्च न्यायालयांचे प्रमुख तशेंच वरिष्ठ न्यायिक अधिकारी एकठांय येतले. न्यायदान व्यवस्थेशीं संबंदीत समकालीन प्रस्न, आंतरराष्ट्रीय वाद निवारण, तंत्रज्ञान आनी शाश्वत विकास ह्या विशयांचेर सहभागी न्यायव्यवस्थां मदीं संवाद घडोवपाक आनी विचारांची देवाणघेवाण करपाक हें मंच एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दितलें.

भारताचे सरन्यायाधीश सूर्यकांत उक्तावणाच्या दिसा विविध देशांच्या न्यायिक शिष्टमंडळांच्या प्रमुखां कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले. ते रशिया, चीन, इजिप्त, इंडोनेशिया, संयुक्त अरब अमिरात, बेलारूस, कझाकस्तान, दक्षिण आफ्रिका, इराण आनी उझबेकिस्तान ह्या देशांच्या न्यायिक फुडाऱ्यांची भेट घेतले.

Janmashtami – 90

श्रीकृष्णाच्या जन्मोत्सवाचो सण जन्माष्टम आज देशभरात भक्तीभावान आनी उत्साहान मनयतात.
राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक जन्माष्टमीच्यो परबीं दिल्यांत. श्रीकृष्णाचें जिवीत आनी शिकवण भारतीय सांस्कृतीक आनी तात्विक दायजांत नवचैतन्य प्रदान करता अशें राष्ट्रपतीनि आपल्या संदेशांत म्हळां. श्रीमद भगवतगीतेंत आस्पावल्ली भगवान श्रीकृष्णाची शिकवण कठीण काळांत विवेकी निर्णय घेवपाक आनी नैतीक मुल्यांचेर ठाम रावपाक मनीसजातीक सदैव प्रेरणा दित रावता अशें तांणी मुखार म्हळां.

Railways – 60

रेल्वे क्षमता वाडोवपा खातीर, सिग्नलिंग सुदारपा खातीर आनी स्वयंचलित दारांची सुविधा आशिल्ल्या नव्या पिळगेच्यो उपनगरीय गाडयो सुरू करपा खातीर पद्धतशीरपनाण काम करता अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णवान सांगलें. मुंबयंत 18 हजार कोटी रुपयाच्या रेल्वे प्रकल्पाचेर काम चालू आसा अशें ताणें सांगलें.
नवी दिल्ली सावन व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं मुंबई (CSMT) ते सिंधुदुर्ग (सावंतवाडी रोड) एक्सप्रेसट्रेनाच्या फ्लॅगिंग ऑफ सुवाळ्यात ते उलयताले.

Shivraj Chouhan - 60

कृशी आनी शेतकार कल्याण आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांच्या अध्यक्षतेखाला काल मुंबईत एक उच्चस्तरीय बसका झाली. या बसकेंत 'दीनदयाळ अंत्योदय येवजण - राष्ट्रीय ग्रामीण आजीविका मिशन' (DAY-NRLM) अंतर्गत स्वयं सहाय्यता गट -बँक लिंकेज आणि वैयक्तिक उद्योगाखातीर

अर्थसहाय्याचो नियाळ घेतलो. विकसित भारताच्या उभारणीखातीर महिला सक्षमीकरण ही प्राथमिक गरज आशिल्ल्याची बाब तांणी बसकेंत उलयतना अधोरेखीत केली.

Amit Shah Goa – 140
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह 6 सप्टेंबर सावन दोन दिसांच्या गोंय भोंवडेर आसतले. 6 सप्टेंबराक सांजवेळार ते गोंय भाजपाच्या नव्या मुख्यालयाचें उक्तावण करपाचें आसा. केंद्रीय मंत्री अमित शाह 7 सप्टेंबराक गोंयांत जावपी अस्तंत विभागीय परिशदेचे उक्तावण करतले अशी म्हायती गोयचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या. ह्या परीशदेत अस्तंत वाठारांतल्या गोंय, गुजरात, महाराष्ट्र आनी दमण आनी दीवचे प्रतिनिधी वांटो घेतले अशें तांणी सांगले.  परीशदेत महाराश्ट्राचे आनी गुजरातचे मुखेलमंत्री, तशेचं उप- मुख मंत्री, आनी दमण आनी दिवचे प्रशासकीय अधिकारी हाजीर आसतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिल्या.

Goa CEC – 100
तरणाट्या नागरिकांक सक्षम करपाक आनी लोकशाय घटमूट करपाक वेंचणूक साक्षरता क्लबांची (ELC) भुमिका मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी अधोरेखित केली. ते काल दक्षिण गोंयांत भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या ELC 2.0 आनी ECINet विशीच्या चवथे प्रादेशिक परिशदेंत उलयताले. विद्यार्थी आनी शिक्षकांक संबोधित करतना कुमार हांणी सांगलें की, विद्यार्थी देशाचें फुडार आसात आनी ELC तांकां वेंचणूक प्रक्रिया आनी लोकशाही मूल्यां समजून घेवपाक मदत करतले.

Badminton – 110
बॅडमिंटनांत, चीनातल्या शेन्झेनात सुरू आशिल्ल्या 'चायना मास्टर्स सुपर ७५०' सर्तींत भारताचो आघाडीचो खेळगडो किदाम्बी श्रीकांत आज दादल्यांच्या एकोडे गटात उपांत्यपूर्व फेरीत हाँगकाँगच्या ली चेउक यिउ आड खेळटलो. श्रीकांतान काल कॅनडाच्या आणि जागतिक क्रमवारीत नवव्या सुवातेर आशिल्ल्या व्हिक्टर लाईचो 21-18, 21-19 असो पराभव केला.

ह्या पयलीं सात्विकसाईराज रंकीरेड्डी आनी चिराग शेट्टी ह्या भारताच्या पयल्या क्रमांकाच्या दादल्यांच्या डबल्स जोडयेन फ्रांसाच्या क्रिस्तो आनी टोमा ज्युनियर पोपोव्ह ह्या भावांचो 21-15, 22-24, 21-9 असो पराभव करून उपांत्यपूर्व फेरयेत धडक मारली. महिला एकोडे गटांत जपानच्या टोमोका मियाझाकीकडल्यान तीन खेळांनी हार खावन तन्वी शर्माचे आव्हान 'राउंड ऑफ १६' त संपुष्टात आयले, जाल्यार मिश्र डबल्स त ध्रुव कपिला आणि तनिषा क्रास्टो हांचे आव्हान संपुष्टात आयले.

Cricket – 20
बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं दुबयंत टी-20 आशिया कपाच्या अ गटांतल्या आपल्या दुसऱ्या मॅचींत भारतान हांग्कांगाक 137 धांवड्यांनी हारोवन उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो.

IMD – 30
भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज मध्य प्रदेशात मुसळधार पावसाची 'ऑरेंज वॉर्निंग' जारी केल्या.